Panaji National 26th February 2026 8.40am

प्रधानमंत्री Narendra Modi आज सकाळी "विकसित भारताखातीर तंत्रज्ञान, सुधारणा आणि वित्त" या विषयावेल्या अर्थसंकल्पा उपरांतच्या वेबिनारांत व्हिडिओ कॉन्फरन्सिंगवरवीं उलोवप करतले.

राष्ट्रपती Droupadi Murmu आयज जैसलमेरांत भारतीय हवाई दलाच्या 'वायु शक्ती' या मेगा प्रदर्शनाक उपस्थित रावतल्यो.

राष्ट्रवादी काँग्रेस पक्षान महाराष्ट्राच्यो उपमुख्यमंत्री सुनेत्र पवार हांची एकमतान पक्षाच्यो राष्ट्रीय अध्यक्ष म्हणून निवड केल्या.

कॅनडाचो प्रधानमंत्री मार्क कार्नी आयज char disanchya भारत भोंवडेर येतात.

आयसीसी दादल्यांच्या टी-20 विश्वचषकांत काल रातीं चेन्नयच्या जाल्ल्या सुपर आठांतल्या म्हत्वाच्या मॅचींत भारतान झिंबावेक 72 धांवड्यांनी हारयलो.

PM Webinar – 85

प्रधानमंत्री Narendra Modi आज सकाळी "विकसित भारताखातीर तंत्रज्ञान, सुधारणा आणि वित्त" या विषयावेल्या अर्थसंकल्पा उपरांतच्या वेबिनारांत व्हिडिओ कॉन्फरन्सिंगवरवीं उलोवप करतले. या वेबिनारात सार्वजनिक भांडवली खर्च, मुळावी बांदावळ, बँकिंग क्षेत्रातली सुधारणा, वित्तीय क्षेत्रातली रचना, भांडवली बाजारांचे सखोलीकरण आणि कर सुधारणांवरवीं जीवन सुलभता या मुद्यांचेर चर्चा जातली.
केंद्रीय अर्थसंकल्प 2026-27 तल्या प्रमुख संकल्पनांचेर आधारित पोस्ट बजेट वेबिनाराच्या माळेतलो हो पयलो वेबिनार.
या वेबीनारच्या माध्यमात्lyan उद्योग, वित्तीय संस्था, बाजारपेठेतले सहभागी, सरकार, उद्योग नियामक आणि शिक्षण तज्ज एकत्र येतले आणि अर्थसंकल्पातल्या महत्त्वाच्या घोषणांच्या प्रभावी अंमलबजावणीच्या उपायांचेर चर्चा करतले.

Amit Shah – 55

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहा काल सावन तीन दिसांच्या बिहार भोंवडेर आसा. नरेंद्र मोदी सरकार भारतीय भूमीतल्यान दरेक घुसखोराक भायर काडपाक कटिबद्ध आसा अशे अररियांत रॅलीत उलयतना शाहा हाणी सांगलें. घुसखोरांपासून मुक्ती ही फक्त मतदार वळेरीतल्यान नावा वगळपा पुरती मर्यादित उरची ना, तर देशातली बेकायदेशीर घुसखोरी पुरायपणानं सोपोवपाखातीर व्यापक मोहीम राबयतले अशे तांणी मुखार सांगले. Bytes – 29

Nepal – 70

5 मार्चाक जावपी सार्वत्रिक वेंचणुकेचे तयारेंत भारत एक सहकारी भागीदार आसा अशें नेपाळाचे रान आनी पर्यावरण मंत्री माधव प्रसाद चौलागैन हांणी सांगलां.शेजारी देश म्हणून, भारत हो एक सामको लागींचो भागीदार आसा आनी सगळी तयारी वेळार पुराय जाल्या आनी वेंचणुके खातीर सगळी संसाधनां उपलब्ध जाल्या हाचि खात्री करपाक मदत केल्या अशें चौलागैन हाणी सांगलें. सुरक्षा आनी फावो ती संसाधनां संयत नेपाळ सार्वत्रिक वेंचणुके खातीर पुरायपणान तयार आसा अशें चौलागैन हांणी सांगलें.

Canada PM – 145

कॅनडाचो प्रधानमंत्री मार्क कार्नी आयज char disanchya भारत भोंवडेर येतात. प्रधानमंत्री कार्नी हांची ही पयली अधिकृत भारत भेट आसतली. ते वेगवेगळ्या वेवसायीक कार्यावळींनी वांटो घेतले, भारतीय आनी कॅनडियन सीईओ, उद्देग आनी अर्थीक तज्ञ, नवोन्मेषक, शिक्षणतज्ज्ञ तशेंच भारतांत आशिल्ल्या कॅनडियन पेन्शन फंडां कडेन संवाद सादतले.

प्रधानमंत्री कार्नी 1 मार्चाक नवी दिल्लीक वतले. दुसऱ्या दिसा प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी कॅनडाचो प्रधानमंत्री हैदराबाद हाऊसांत शिष्टमंडळ पांवड्यार उलोवणी करतले. दोनूय फुडारी भारत-कॅनडा धोरणात्मक भागीदारीच्या वेग वेगळ्या क्षेत्रांतल्या आतामेरेनच्या प्रगतीचो नियाळ घेतले. ते वेपार आनी गुंतवणूक ऊर्जा, म्हत्वाची खनिजा, शेती, शिक्षण, संशोधन आणि नवोन्मेष, तसेच लोका मदले संबंध यांसारख्या मुखेल स्तंभांमदि सुरू आशिल्ल्या सहकार्याचोय नियाळ घेतले. तशेंच प्रादेशिक आनी संवसारीक घडामोडीं विशीं दोनूय फुडारी विचारांचो आदान-प्रदान करतले.

प्रधानमंत्री मोदी आनी प्रधानमंत्री कार्नी त्याच दिसा नियोजित आशिल्ल्या 'भारत-कॅनडा सीईओज फोरमाक हाजीर रावपाचे आसात.

आमचो प्रतिनिधी कळीत करता त्या प्रमाण भारत-कॅनडा द्विपक्षीय संबंध पूर्ववत जाता आसतना एका महत्त्वाच्या टप्प्याचेर ही भेट जाता.

Prez – 110

राष्ट्रपती Droupadi Murmu काल सांजे दोन दिसांच्या भेटेर राजस्थानांतल्या जैसलमेर पावल्यो. सकाळीं जयसलमेर हवाई दळ स्टेशनाचेर स्वदेशी बनावटीच्या लायट कॉम्बॅट हेलिकॉप्टर (एलसीएच) ‘प्रचंद’ हातूंत उड्डाण करटल्यो. ‘प्रचंड’त उड्डाण केल्या उपरांत राष्ट्रपती हेर नियोजित कार्यक्रमांत सहभागी जातल्यो.

लक्षणीय बाब म्हणजे LCH ‘प्रचंड’ हे भारतातील पयले स्वदेशी डिझाइन आणि विकसित केलेले लढाऊ हेलिकॉप्टर आणी ते Hindustan Aeronautics Limited (HAL) निर्मित केला.

राष्ट्रपती आज सांजवेळार भारत-पाकिस्तान शिमेचेर आशिल्ल्या Pokhran Field Firing Range त भारतीय हवाई दलाच्या ‘वायु शक्ती’ या मेगा प्रदर्शनाक उपस्थित रावतल्यो. या कार्यक्रमा वेळार हवाई दलाची वेगवेगळी विमाने आपली operational कार्यक्षमता प्रदर्शित करतली. राष्ट्रपतीं बरोबर संरक्षण मंत्री Rajnath Singh आणि मुख्यमंत्री Bhajanlal Sharma ह्या कार्यक्रमाक हाजीर रावतले.

NCP Pawar – 55

राष्ट्रवादी कॉँग्रेस पक्षान महाराष्ट्राच्यो उपमुख्यमंत्री सुनेत्र पवार हांची एकमतान पक्षाच्यो राष्ट्रीय अध्यक्ष म्हणून निवड केल्या. काल मुंबयतल्या वरळीत जाल्ल्या राष्ट्रीय कॉँग्रेसीच्या अधिवेशनांत हो निर्णय घेतला. पक्षान सर्गेस्त अजीत पवार हांचो पूत पार्थ पवार हांची राज्यसभेच्या वेंचणुकेखातीर उमेदवार म्हणून घोषणा केली. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत नवनिर्वाचित पक्षाध्यक्षा सुनेत्रा पवार हांणी पक्षाचे वरिश्ठ फुडारी, पदाधिकारी, आनी कार्यकर्त्यांचे उपकार मानले.

Paradip – 110

बंदर, shipping आनी उदकामार्ग मंत्रालयान पारादीप बंदराचेर हरित हायड्रोजन, अमोनिया आनी हेर द्रव माल हाताळपा खातीर संबंदीत सुविधा आशिल्ली जेटी उभारपाक मान्यताय दिल्या आनी हजेर अदमास 797 कोटी रुपया परस चड खर्च

येतलो. हो प्रकल्प Paradip Port Authority मार्फत ' (Build-Operate-Transfer) तत्वाचेर राबयतले. ह्या प्रकल्पाक लागून माल येरादारीची क्षमता वाडटलीच,तेच बरोबर गुंतवणूकेक चालना मेळटली, नोकऱ्यो निर्माण जातल्यो आनी उदेंत भारतांत घटमूट पाचवी उर्जा ecosystem तयार करपाक मदत जातली अशें केंद्रीय बंदरां, जहाज येरादारी आनी उदकामार्ग मंत्री सर्वानंद सोनोवाल हांणी सांगलें. मंत्रालयान दिल्ल्या माहिती प्रमाण, हरित हायड्रोजन क्षेत्राच्या प्रारंभिक वाढीच्या टप्प्यात सुविधेचो प्रभावी वापर सुनिश्चित करपाखातीर तसेच पारादीप बंदराच्या मालवाहतुकीच्या स्वरूपात विविधता हाडपाखातीर हेर द्रव माल हाताळपाची तरतूदूय या सुविधेत करतले.

SEBI – 60

भारतीय सिक्युरिटीज अँड एक्सचेंज बोर्डान (सेबी) नियंत्रीत केल्ल्या सगळ्या संस्थांक सोशल मिडिया प्लॅटफॉर्माचेर सिक्युरिटीज मार्केट संबंदीत सामुग्री पोस्ट करतना आपलें नोंदणीकृत नांव आनी नोंदणी क्रमांक उघड करपाचो निर्देश दिला. काल जाहीर केल्ल्या परिपत्रका वरवीं हो निर्देश जारी केला. हो आदेश स्टॉक ब्रोकर, पोर्टफोलिओ मॅनेजर, म्युच्युअल फंड, तसेच वितरकां संयत मध्यस्थ आणि एजंटांक लागू जाता. नवे नेम 1 मे सावन लागू जातले.

Afghan – 40

अफगाणिस्तान काल रातीं पाकिस्तानाचेर प्रत्युत्तरात्मक हल्लो केलो, हातूंत 55 पाकिस्तानी सैनिकांक मरण आयलें. फकत कांय दिसां आदीं पाकिस्तानान अफगाणिस्तानाच्या शिमेवयल्या वाठारांनी हवाई हल्लो केल्लो. ह्या प्रत्युत्तरात्मक हल्ल्यांत पाकिस्तानी सैन्याचीं 19 चौक्यो आनी दोन लश्करी तळ ताब्यात घेतल्यात अशें अफगाणिस्तानच्या संरक्षण मंत्रालयान सांगलां.

IMD – 60

भारतीय हवामान खात्यान (IMD)न उप-हिमालयीन अस्तंत बंगाल आणि Sikkimत काय सुवातींनी thunderstorms accompanied with lightning and gusty winds अदमास उक्तायला. अशीच हवामान परिस्थिती Mahe आणि Keralaत आसपाची शक्यता आसा. शनिवार पर्यंत Punjabत काय सुवातींनी दाट धुकें पडपाची शक्यताय आयएमडीन उक्त्याला. फुडल्या सात दिसांत देशाच्या वायव्य वाठारांत चडांत चड

तापमान हळूहळू दोन ते चार अंश सेल्सियस वाडपाची शक्यताय आसा असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.

T20 – 150

आयसीसी दादल्यांच्या टी-20 विश्वचषकांत काल रातीं चेन्नयच्या एमए चिदंबरम स्टेडियमांत जाल्ल्या सुपर आठांतल्या म्हत्वाच्या मॅचींत भारतान झिंबावेक 72 धांवड्यांनी हारयलो. भारतान दिल्ल्या 257 धांवड्यांच्या व्हड मोखिचो फाटलाव करतना सिकंदर रझाच्या फुडारपणा खाला झिंबावेन 20 ओव्हरींनी 6 विकेटी वगडावन 184 धांवड्यो केल्यो.

आयतारा कोलकाता हांगाच्या नामनेचे ईडन गार्डन्सांत जावपी निमाणो सुपर आठ मॅचींत भारत वेस्ट इंडीज आड खेळटालो.